१४-०५-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

अहवाल - 150

शिरगांवा चेंगरीचेंगरी विंशी सरकारान महसुल सचिव संदिप जॅकीस हांच्या अध्यक्षतायेखाला नेमिल्या समितीन दोन दिसा पयली चेंगराचेंगरी जावपाच्या कारणाचो फेक्ट पायम्डींग अहवाल सराकराक दिला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. अशिर रस्तो, गरजेपरस चड स्टोलांक पंचायतीन दिल्ले परवाने, गर्दी नियंत्रणात दवरपाकातीर योग्य पावला उबारुक नाशिल्यान, पुलिसांचे एका मेकांकडे नाशिल्लो संपर्क, तशेचं कांय धोणांची बेशिस्तपणाक लागुन शिरगांवा जात्रेक चेंगराचेंगरी जाली अशी म्हायती ह्या अहवालात मेळ्या अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. प्रथा आनी परंपरा सामाळुन फुडारात राज्यात चड भाविक येवपी सण , तशेच जात्रा आनी धर्मिक हेर सुवाळ्यावेळार खासा भारतीय न्याय संसहिता काय्द्यावरवी खासा माग्रदर्शक तत्वा सराकर चालीक लायतले. हे शिवाय अशा वेळार सीसीटीव्ही, वोच टावरवरवी देखरेख दवरतले, जे अधिकारी हे खातीर जवाबदार आसात तांका कारणा दाखया नोटीस काय दिसानी धाडयले, फुडल्या जात्रेमेरेन अशिर रस्तो रुंद करतले, तशेचं फुडल्या जात्रे पयली धोणांची तळी ते होमखण मेरेन रस्तो राखीव दवरतले, थंयच्यार हेर भाविकांक यो वच करपाक मेळची ना अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

खंवटे 120

गोंय पर्यटनाच्या वेगवेगळया जाळवणदारांकडे काल पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी बसका घेतली. पहलगाम हल्या उपरांत पर्यटन मळांची सध्याची स्थितीचो नियाळ ह्यावेळार मंत्र्यान घेतला.

जानेवारी ते मार्च 2025 म्हयन्यात विदेशी आनी देशी पर्यटकांचो बरो आकडो वाडला, पोरु परस अंदु रशियन पर्यटकांचो आकडो चड आसा अशीय म्हायती ह्यावेळार मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या.तशेंच मिजल इस्ट आनी यु.ए. इ च्या नागरीकांक मन्सुन पर्यटनाखातीर आर्कर्शित करपाक पर्यटन खाते भर दितले अशे रोहन खंवटे हांणी म्हळा.

सिंदूर रॅली -

OPERATION SINDHOOR वरवी पाकीस्तानांक चोख उत्तर दिवपी भारतीय लश्कर, नौदळ तशेचं वायु सेनाच्या कार्याची तुस्त करपी तिंरगा रॅली आनी सिंदुर यात्रा काल भाजपावतीन पर्वरे विद्या प्रबोधिनी हायस्कुल ते शिवाजी चौक मेरेन आयोजित केल्ली. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत तशेंच पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे, भाजप प्रदेसाध्यक्ष दामोदर नायक, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, तशेचं भाजप कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान हाजीर आशिल्ले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हे  आकांतवाद हुमटोवन उडोवपाखातीर भारताकडे तत्पर आसात. भारत देसाकडे घटमुट अशी सेना आसा, पाकीस्तान ओक्युपायड काश्मिर भारत परत मेळयतलेच, जाल्यार पाकीस्तानाच्या हल्याक भारत चोख उत्तर दितले असो विस्वास ह्यावेळरा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार व्यक्त केला. BYTE

हवामान - ३०

हवामान खात्यान नोंद केल्ल्या प्रमाण पणजेत चडानचड तापमान ३५.५ अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २८ अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला. गोंयात आयज म्हळ्यार १४ मेक वा-याचो नेट ४५ ते ५५ किलोमिटर मेरेन पावपाची शक्यताय आसा. हे खातीर नुस्तेमा-यानी दर्यात वचचे न्हंय अशेंय हवामान खात्यान कळीत केला.

आयपीएल - ४०

इंडियन प्रीमियर लीग-आयपीएल १७ मे सावन परतून सुरू जातली. भारताच्या ऑपरेशन सिंदूराक लागून ती एका सप्तकाखातीर स्थगित केल्ली. १७ मे बेंगळुरूच्या एम. चिन्नास्वामी स्टेडियमात रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू आनी कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडामदी खेळ जातलो. मोहाली आनी धर्मशालात  आयपीएल २०२५ चे खंयचेच खेळ जावचे नात.